**श्री. गावडे हांच्या हस्तुकीं राज्य युवा महोत्सवाचे उक्तावण**

ता. 28
नोव्हेंबर 2022

खेळा आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी आयज सांखळेच्या रवींद्र भवनात खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यान आयोजीत तीन दिसांच्या 19 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे उक्तावण केले

आमदार आनी गोंय राज्य बागायत म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. प्रेमेंद्र शेट राज्य युवा महोत्सवाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना खेळा आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी हे युग युवा शक्तिचें युग आशिल्ल्याचें सांगून युवकांनी आपल्या जीणेत सातत्यान प्रयत्न करून राज्य आनी देशाच्या परजळीत फुडाराखातीर आपल्या शक्तिचो उपेग करपाचो उलो मारलो.

युवकांनी आपल्या जीणेत निश्चित उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर संयम बाळगून सातत्यान प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

श्री. प्रेमेंद्र शेट हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

खात्याच्यो पालवी संचालक जेनिफर गोन्साल्विस हांणी सुरवातीक मानेस्तांक येवकार दिलो. पालवी संचालक डॉ. विवेक पवार हांणी निमाणे उपकार मानले.

30 नोव्हेंबर मेरेन चलपी राज्य युवा महोत्सवात लोकगीत, तबला, शास्त्रीय गायन आनी हार्मोनियम भरतनाट्यम, कथक, सतार वादन, गीटार वादन, बांसरी वादन, पोस्टर सर्त, पॉवरपॉईट प्रजेन्टेशन, पथनाट्य लोकनाच, फोटोग्राफी, रांगोळी, एकपात्री आनी वक्तृत्व सर्त जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/736

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji